# <u>प्रादेशिक सैन्य दळाच्या पांयदळ पलटणीत भरती</u>

ता. 7 डिसेंबर 2018
16 मार्गशीर्ष 1940

प्रादेशिक सैन्य दळाच्या 116 पांयदळ पलटणीत 59 सैनिक (जनरल डयूटी), 3 सैनिक (चीफ कॉम्युनिटी), 2 सैनिक (हाऊस ड्रेसर),2 सैनिक (हाऊस किपर), 1 सैनिक (वॉशरमन) आनी 1 सैनिक (क्लार्क स्टाफ डयूटी) पदांखातीर भरती करपाखातीर ता. 16 ते 22 डिसेंबर 2018 मजगती 116 इनफन्ट्री बटालीयन, (टीए)पारा, देवळाली, नाशिक हांगा भरती रॅली आयोजित केल्या. पात्र उमेदवारांनी सकाळी 6.00 वरांचेर दाखल्यांची तपासणी, वैजकीय तपासणी आनी हेर निवड चाचणीखातीर थळार हजर रावपाक जाय.

जनरल डयूटी सैनिक पदाखातीर उमेदवार शालांत परीक्षा 45 टक्के गुणांसयत उत्तीर्ण आसपाक जाय. हेअर ड्रेसर, वॉशरमन, चीफ कम्युनिटी सैनिक पदाखातीर उमेदवार संबंदीत वेवसायात निपूण आनी प्रशिक्षित आनी शालांत परीक्षा उत्तीर्ण आसपाक जाय. हाऊस किपर पदाखातीर उमेदवार 8 वी पास आनी संबंदीत वेवसायात निपूण आसपाक जाय. क्लार्क डयूटी पदाखातीर उमेदवार 50 टक्के गुणासयत बारावी परीक्षा उत्तीर्ण आसपाक जाय तशेंच टंकलेखन परीक्षेत उत्तीर्ण आसपाक जाय. उमेदवाराची पिराय 18 ते 42 वर्सा मजगती आसपाक जाय.

तशेंच उमेदवारांची उंची 160 सेंमी., वजन 50 कि.ग्रॅम, छाती 77 सेंमी.द्ध82 सेंमी. आसपाक जाय आनी हेर शारीरिक चाचणेत पास जावपाक जाय.

उमेदवारांनी मूळ जल्म दाखलो, जातीचो दाखलो, शिक्षणिक दाखले आनी हेर दाखल्याच्या प्रमाणित प्रतीसयत भरती रॅली खातीर हजर रावचे.

मा/सप/जीपीपी/जॉआ/विगां/सुसुका/2018/1793